Panaji

23 /04 /2026 प्रादेशिक खबरो 7;20 PM

मडगाव: पुराय गोय राज्यात कोयराची समस्या ना जावची हे खातीर पुराय राज्यातल्या कोयराचो विलो लावपाचे काम घनकचरो खात्यावतीन सुरू करतले अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी सांगले.
सोनसोडो मडगाव हांगा साडे सात कोटी रुपयां खर्चून उभारिल्ल्या कोयर गॅसिफकेशन प्रकल्पाचे आज मुखेलमंत्र्यां हस्तुकी उक्तावण जाले. ह्या वेळार भौशीक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, फातोर्डाचे आमदार विजय सरदेसाय, कुडतरीचे आमदार **ऑ**लेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स, नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार, मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार तशेच हेर मानेस्त हजीर आसले.
गोयांतली प्रत्येक नगरपालिका आणि पंचायत वाठार निवळ दवरपाखातीर सरकार योग्य ती तजवीज करतले अशें उतर ताणी ह्यावेळार दिले.
ह्या वेळार मंत्री दिगंबर कामत तशेच आमदार विजय सरदेसाय आणि **ऑ**लेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स हांचीय ह्या वेळार उलोवपा जाली.

गोंय मनीसबळ उदरगत संस्थेवतीन आयज वेर्णा उद्देगिक वसणुकेत जॉब फेराचे आयोजन केला. ह्या उपक्रमात २५ कंपनीनी वाटो घएतला. जाल्यार नोकरी मेळोवपाखातीर राज्यातल्या ६ हजार तरणाट्यांनी हांतुनो नांव नोंदणी केला.

ह्या जॉब फेराचे उक्तावण केल्या उपरांत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोदा सावंत हांण सांगले ही जीएचआरडीसी वतीन आयोजित केल्लो हो पयलो असो नोकर भरती मेळावो. आयज मुलाखतीत सिलेक्ट जाल्लया पात्र उमेदवारांक १ तारखेमेरेन नेमणुक पत्रा मेळटली. जाल्यार २ मे च्यान तांचे काम सुरु जातले अशी म्हायती मुखएलमंत्र्यान दिल्या सरकारी नोकरी मेळओवपाक लेगीत ह्यानफुडे खासगी आस्थापनात काम केल्याचो अणभवाचे पत्र जाय पडटले अशे तांणी म्हणला. गोंयांत आशिल्लया नोकऱ्यांचो लाव घेयात, ना जाल्यार राज्याभायले मनीस हांगा येवन नोकऱ्यो करतात अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

ह्यावेळार उद्देग मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी एका तेपार गोंय हे फकत पर्यटना खातीर ओळखताले, मात आता इको फ्रेण्डली उद्देगाखातीर गोंयची ओळख जांवक लागला. गोंयांत आशिल्लया नोकरेचो लाव गोंयकारा तरणाट्यांनी घेवचो अशे तांणी म्हळा.

हो नोकरभरती मेळावो सांजेचे पाच जायसर आसा. जाल्यार सुरवेक १३३० जणांची निवड आयज जातली. हेर उमेदवारांक तांचे बायडेटाप्रमाण नोकरी काय दिसांनी दितले अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

गोंयात petrol and disel चो मुबलक साठो आसा.ताका लागुन लोकांनी panic buying करची न्ही अशे आवाहन आयज.... हांणी केला.

गोंयात दर दीसा 10600 गॅसीच्या सिलींडराची पुरवण जाता .जाल्यार सध्या प्रत्यक्ष 8953 सिलिंडराची दर दीसा मागणी आसा.जाल्यार सुमार 2 हजिर panic buying जाता अशी म्हायती महसुल खात्याचे सचिव संजीव गडकार हांणी दील्या.पणजे सचिवालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले.ह्यावेळार तेल कंपनीचे प्रतीनीधी हाजीर आशील्ले.

पणजी,मडगांव,फोण्या हांगा PNG यंत्रणेवरवी gas connection दीतात अशी म्हायती ह्यावेळारा oil marketing company चे समन्वयक मधुरेंद्र पाण्डे हांणी दील्या. गोयांत lpg ची black marketing करपी 450 जणांचेर कारवाय केला अशी म्हायती ह्यावेळार तांणी दील्या.

मडगाव: सेंट फ्रान्सिस झेवियर हांचेर वायट उतरां उलोवपाचो आरोप आशिल्ल्या गौतम खट्टर हाका रोखडीच अटक करतले अशी माहिती आज मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी दिली.

आज मडगाव हांगा पत्रकारांनी तांका हेविशी विचारले तेन्ना ताणी पोलीस तपास योग्य दिशेन चालू आसा अशे सांगले.

गौतम खट्टर हाचो भाव माधव खट्टर हाका अटक केल्या आणि रोखडीच गौतम खट्टर हाकाय अटक जातली असो विश्वास ताणी उक्तायलो.

इतले मजगती गौतम खट्टर हाका अटक करची अशी मागणी घेवन आज सांजवेळा मडगाव हांगा नागरिकांनी मेणवाती घेवन फेरी काडली. सकाळी सांगे हांगा नागरिकांनी पोलीस ठाण्यार वचून कागाळ दिली. आता मेरेन दक्षिण गोयांत वास्को, मडगाव, मायणा - कुडतरी, कुंकळी, कोलवा , केपे , सांगे आणि कुडचडे ह्या पोलिस ठाण्यात खट्टर हाच्या आड कागाळी दाखल जाल्यात.

शिक्षकांनी वर्गांतल्या शिक्षणाभायर विद्यार्थ्यांक अतिरिक्त ज्ञान प्राप्त करून दिवपाची गरज आसा. खंयचोय वेवसाय करपाक तांकां योग्य मार्गदर्शन करून प्रोत्साहीत करचे, अशें उद्गार मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी खांडोळा हांगा उलयतना काडले.

खांडोळा महाविद्यालय पुण्यश्लोक अहिल्याबाई होळकर गर्ल्स हॉस्टेलाचें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं काल नामफलकाचें अनावरण करून उक्तावण जालें. ह्या वेळार मुखेल सोयरे म्हूण ते उलयले. तांच्या वांगडा आमदार गोविंद गावडे, कुंभारजुवेचे आमदार राजेश फळदेसाई, जिल्हा पंचायत वांगडी सुनील जल्मी, सरपंच श्रद्धा फडते, शिक्षण सचिव प्रसाद लोलयेकर, शिक्षण संचालक भूषण सावईकर आनी हेर मानेस्त हाजिर आशिल्ले.

चलयांचें वसतिगृह महाविद्यालयाच्या मुळाव्या सुविधांच्या बळकटीखातीर, तशेंच चलयांक उच्च शिक्षणाच्यो संद उपलब्ध करपाखातीर म्हत्वाचो टप्पो थारतलो. वसतिगृहांत २८ सुसज्ज कूड आसून दर एके कुडींत दोन विद्यार्थिनींची रावपाची वेवस्था आसा. सोयऱ्यांखातीर स्वतंत्र कुडांचीय वेवस्था केल्या. वसतिगृहांत भोजनालय, मनोरंजन कक्ष, योग आनी ध्यान कक्ष, वाचनालय, स्टेशनरी कक्ष आनी लाँड्री अश्यो आधुनिक सुविधा उपलब्ध आसात. हाचे भायर फाटल्या वटेन बॅडमिंटन कोर्टाची लेगीत सोय केल्या जेणेकरून विद्यार्थिनींच्या सर्वांगीण विकासाक हें उपेगी थारतलें.

जय आमोणकार हांका प्रतिश्ठीत दादासाहेब फाल्के आंतरराष्ट्रीय सिनेमा पुरस्कार २०२६ फावो जाला. हो पुरसकार मेळोवपी तो पयलो गोंयकार जांवन आसा. जय आमोणकार हे खंवटे मोटर्स मर्सिडीज बेंज कंपनीचो अभियंतो म्हणून काम करता. ताणें प्रबध्धा आनी मानस ह्या पुरस्कार फावो जाल्ल्या लघुपटांनी सिनेमांत आपली सुवात मेळयल्या आनी संवसारीक पांवड्यार नामना जोडल्या.

दादासाहेब फाळके हो आंतरराष्ट्रीय सिनेमा पुरस्कार २०२६ मेळोवन नम्र आनी भोवमान जाल्लया खातीर हांव खुब खोशी आसा. म्हज्या लघुपट आनी संगीत व्हिडियोंतल्या म्हज्या वावराक वळखून घेवपाचो हो खाशेलो खिण. दादासाहेब फाळके सिने पुरस्कार २०२६,पुणे हांगा "बेस्ट रायटर डायरेक्टर" म्हूण मान्यताय मेळिल्ल्याचो खोस जाता. हो म्हज्या सिनेमातल्या प्रत्येक टीम मेम्बरांक मेळिल्लो पुरस्कार शए हांव मानता जय आमोणकार हांणी म्हणला.

गोंय साधन सुविधा विकास महामंडळ हांच्यावतीन साखळेच्या रवींद्र भवानच्या विस्तारित कामाचो बुनियादी फातर बसोवपाचो सुवाळो आयज 23 एप्रिल दीस सांजवेळ 7 वरांचेर रवींद्र भवन वाटारात जातलो .या सुवाळयाक मुखेल सोयरे म्हुण मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले.तांचे सांगतान कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर, महामंडळाचे अध्यक्ष तशेच कळंगुटचे आमदार मायकल लोबो, साखळीची नगराध्यक्ष सिद्धी पोरोब, रवींद्र भवनचे उपाध्यक्ष विशांत चीमुलकर,नगरसेवक प्रवीण ब्लेगन कला आणि संस्कृती खात्याचे संचालक विवेक नायक तशेच गोवा साधन सुविधा विकास महामंडळाचे व्यवस्थापकीय संचालक रोहित कदम हजर आसतले .

1) गोंय राज्याचे मानादीक मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांच्या वाढदिसाच्या निमित्तान फाल्यां 24 एप्रिल 2026 दीसा रवींद्र भवन सांखळी हांगसर एका दिसाचे आयुर्वेद भलायकी शिबिर आयोजित केला.हे बहुविशेषग्य् आयुर्वेद शिबिर सकाळी रविंद्र भावनात सुरू जातले. हातुत वेगवेगळया रोगासंबंधी जनजागृती तशेच तपासणी करुन ताचेर योग्य उपचार दिवपा संदर्भात तज्ञ डॉक्टर मार्गदर्शन करतले .या बहु विशेषज्ञ आयुर्वेद शिबीरात वाटेकर जावपाखातीर इच्छुकांनी 9319828581 या नंबराचेर संपर्क साधचो अशें आवाहन आयोजकांनी केला.

2) गोंय राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांचो फाल्यां शुक्रवार 24 एप्रिल 2026 या दिसा भव्य वाढदिस सुवाळो सांजवेळ 5 वरांसावन सांखळी रवींद्र भावनात जातलो . तांच्या वाडदीसानिमतान विंगड विंगड कार्यावळीचे आयोजन केला.साखळी तसेच गोंयच्या नागरिकांनी वडा संखेन या वाढदिस सुवाळयाक हजर रावचें अशें आवाहन मुख्यमंत्री डॉक्टर सावंत वाडदीस समितीन केल

फोंडा शार परिसरांतल्या बसस्थानकाक जोडपी पोर्तुगीज कालीन पोरन्या साकवाचें पुनर्बांधकाम सुरू केल्ल्यान ह्या एकेरी मार्गाचेर येरादारी बंद केल्या. ही येरादारी फोंडा पुलिस स्टेशनामुखारल्यान सुरू केल्या. १५ मे मेरेन हो येरादारी बदल केल्लो आसा. ते मेरेन साकवाचें काम पुराय जातले अशें सार्वजनीक बांधकाम खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी सांगलां.

फोंड्यांतल्या पोरन्या बसस्थानकावेल्यान मडगांव थावन येवपी गाडयो एकेरी मार्गान फोंडा पुलिस स्टेशनाचे फाटल्यान आशिल्ल्या रस्त्यावेल्यान येतात, तर मडगांवाक वचपी गाडयो फोंडा पुलिस स्टेशनाचे मुखावेल्या रस्त्यावेल्यान वतात.

येरादारीची कोंयडी जावची न्हय म्हूण ही येरादारी वेवस्था केल्ली जी आयज मेरेन सुरू आसा; पूण पोर्तुगीज कालीन साकव कमकुवत जाल्ल्यान तो नव्यान बांदपाक निविदा काडिल्ली, पूण फोंडा मतदारसंघाची पोटनिवडणूक जाहीर जाल्ल्यान हें काम राविल्लें, तें आतां सुरू केलां.

ह्या साकवाच्या पुनर्बांधकामाखातीर ७० लाख रुपयांची निविदा जाहीर केल्या उपरांत फोंड्यांतल्याच एका बांधकाम आस्थापनान हें काम घेतलां. सार्वजनीक बांधकाम खात्यान ह्या कामाची निविदा काडल्या. साकव आनी ताच्या कुशीच्या वाठाराचें बांधकाम पुराय करून दिवपाक पावसा आदीं ३१ मे २०२६ मेरेनची मुदत कंत्राटदाराक दिल्या आनी सध्या हे जोरान काम सुरू आस

हवामानाच्या वेगळया वेगळया कारणांक लागून आयज सावन 25 तारीख मेरेन राज्यांत पावस पडपाची शक्यताय हावामान खात्यान उक्तायल्या. आयज पणजेत